**कला अकादमीन आंतरराष्ट्रीय दर्जाचे कलाकांर तयार केले- मुख्यमंत्री**

**कला अकादमी इमारतीच्या दुरूस्ती आनी नुतनीकरण कामाचो शुभारंभ**

ता. 5 एप्रिल 2021

कला अकादमीच्या मुळाव्या बुन्यादी बांदकामाक हात लायनासतना कला अकादमी इमारतीच्या दुरूस्ती आनी नुतनीकरणाचे काम करपात येतले, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज कला अकादमी इमारतीच्या दुरूस्ती आनी नुतनीकरण कामाचो शुभारंभ केले उपरांत उलयताना सांगलें.

50 कोटी रूपया खर्च करून धा म्हयन्याच्या मुदतीत इमारतीची दुरूस्ती आनी नुतनीकरणाचे काम पुर्ण करपात येतले.

कला अकादमी ही पवित्र वास्तू आसून ह्या वास्तुंत आंतरराष्ट्रीय दर्जाचे कलाकांर तयार जातात. कला अकादमीतल्यान तयार जाल्ल्या कलाकारांनी देश तशेंच जागतीक पावंड्याचेर गोंयांक नामनां मेळोवन दिल्ली आसात. ह्या वास्तुच्या मुळ आराखड्याक हात लायनासतना वास्तुकलेचो नमुनो आशिल्ल्या ह्या इमारतीचे नुतनीकरण करपात येतले, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

आमी गोंय मुक्तीचे 60 वे वर्स मनयता आसतना मानवी प्रयत्नांच्या प्रत्येक मळार गोंयांक स्वयंपुर्ण करपा खातीर सरकाराचे प्रयत्न आसात. राज्यांत वेगळ्या वेगळ्या प्रकल्पांची कामां चालू आसून ती पुर्ण करपा वांगडाच नवीन प्रकल्पांची कामां हातांत घेवपात येतली, अशें तांणी सांगले.

मुख्यमंत्र्यान कलाकारांक आपल्या क्षेत्रात प्रभूत्व मेळोवन गोंयांक नावलौकीक मेळोवन दिवपाचो उलो ह्या वेळार मारलो.

कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी आपल्या येवकाराच्या उलोवपात कला अकादमी कलाकारांखातीर पवित्र वास्तूआसून ह्या वास्तुंत आंतरराष्ट्रीय दर्जाचे कलाकार तयार जावन तांणी गोंयांक नावलौकीक मेळोवन दिल्ल्याचे सांगून लोकांनी वास्तुच्या नुतनीकरण कामाच्याबाबतीत सरकाराक सुचोवण्यो करपाचो उलो मारलो.

भौशीक बांदकाम मंत्री श्री. दीपक पाऊसकर हांणी कला अकादमीचे म्हत्व आनी पावित्र्य आमकां सगळ्यांक खबर आशिल्ल्याचे सांगून नुतनीकरणाचे काम करतना ह्या गजालींचो विचार जातलोच त्याच बरोबर कामाचोय दर्जो राखपात येतलो म्हणपाचे सांगलें.

सुरवातीक कला अकादमीच्या थिएटर आर्ट महाविद्यालयाच्या विद्यार्थ्यांनी गोंयची कला संस्कृती, लोकसंगीत, लोकनाट्याचे दर्शन घडोवपी गोमंत दर्शन कार्यक्रम सादर केलो.

कला आनी संस्कृती सचीव श्री. संजय गिहार , पणजीचे महापौर श्री. रोहित मोन्सेरात, कला आनी संस्कृती संचालक श्री. सगुण वेळीप, पालवी संचालक श्री. अशोक परब, लेक्टन बिल्डकॉनचे श्री. विक्रांत बागवे, आर्किटेक्ट मेरविन गोम्स, भौशीक बांदकाम विभागाचे अभियंते श्री. शशिकांत कामत आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार हाजिर आशिल्ले.

गोंय संगीत महाविद्यालयाचे प्राचार्य श्री. रामराव वाघ हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. गोमंत दर्शन कार्यक्रमाचे संचालक श्री. दीपक आमोणकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/370

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji